भाजपाचे वडील फुडारी मोहन चरण माझी ओडिशाचे नवे मुखेलमंत्री आयज सांजवेळार सोपूत घेतले.

आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री म्हूण नारा चंद्रबाबू नायडू आयज सकाळीं 11 जावन 27 मिनटानी सोपूत घेतले.

लेफ्टनंट जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांची फुडले लश्करी मुखेली Chief of the Army Staff म्हणून नेमणूक जाल्या.

जम्मू काश्मीरच्या कठुआ जिल्यात सुरक्षा दळा बरोबर चालू आशिल्ल्या फारपेटात एका आतंकवाद्याक मरण

क्रिकेटांत, ICC दादल्यांच्या टी-20 संवसारीक करंड सर्तींत आयज सांजवेळा न्यूयॉर्कांतल्या नासाऊ काउंटी आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानावर भारत आड अमेरिका हो खेळ जातलो.

STORY

भाजपाचे वडील फुडारी मोहन चरण माझी हे ओडिशाचे नवे मुखेलमंत्री आसतले . भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत आयज सांजवेळार सोपूत विधी सुवाळो जातलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह, केंद्रीय मंत्री जुआल ओराम, अश्विनी वैष्णव आनी भाजपा सत्तेर आशिल्ल्या जायत्या राज्यांचे मुखेलमंत्री ह्या सोपूत विधी सुवाळ्याक हजर आसतले.

केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग आनी भूपेंद्र यादव ह्या दोन केंद्रीय निरिक्षकांच्या हाजिरेंत भाजपा विधीमंडळ पक्षान एकमतान 52 वर्सां पिरायेच्या मोहन चरण माझी हांका आपलो फुडारी म्हूण वेंचपाचो निर्णय घेतलो. माझी ओडिशाच्या केओनझारांतल्यान चार फावटीं आमदार जाल्यात. 2000, 2004, 2019 आनी 2024 वर्सा ओडिशा विधानसभेंत ते वेंचून आयले. राज्यांतल्या लोकांची अपेक्षा पुराय करपा खातीर आपलें सरकार आपले परीन यत्न करतलें अशें माझी हांणी मुखेलमंत्री म्हणून वेंचून आयले उपरांत उलयताना सांगलें. भाजपाचे वडील फुडारी कनक वर्धन सिंग देव आनी प्रवाती परिदा अशे दोन उपमुखेलमंत्री आसतले अशें भाजपान थारायलां. कनक वर्धन सिंग देव स खेपे आमदार आनी आदले मंत्री जावन आसात आनी पाटनगर विधानसभा मतदारसंघाचें प्रतिनिधित्व करतात, जाल्यार प्रवाती परिदा ह्यो निमापारा विधानसभा मतदारसंघाचें प्रतिनिधित्व करतात. त्यो पयलेच खेप आमदार म्हून वेचून आयल्यात.

आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री म्हूण नारा चंद्रबाबू नायडू आयज सकाळीं 11 जावन 27 मिनटानी विजयवाडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळा लागसारच्या केसरपल्ली आयटी पार्कांत सोपूत घेतले. मुखेलमंत्री म्हूण नायडू हांचो हो चवथो कार्यकाळ आसतलो. सोपूत विधीच्या सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सयत हेर जायते मानेस्त ह्या सुवाळ्याक हजर रावपाचे आसात. हाचे पयली नायडू हाणी राज्यपाल एस अब्दुल नझीर हांची भेट घेवन सरकार घडोवपाचो दावो सादर केल्लो. उपरांत राज्यपाल नझीर हाणीं नायडू हांका सरकार घडोवपाक आपयलो.

STORY

अरुणाचल प्रदेशांतल्या भाजपा विधानसभा पक्षाच्या फुडाऱ्याचे वेंचणुके खातीर भाजपा संसदीय मंडळान खासदार रविशंकर प्रसाद आनी पक्षाचे राष्ट्रीय सरचिटणीस तरुण चुघ हांकां केंद्रीय निरिक्षक म्हणून नेमल्यात. नव्या मुखेलमंत्र्याच्या नांवाचो एकमतान निर्णय घेवपाखातीर आयज दनपारां इटानगरांत पावून भाजपा ते आमदारांबरोबर बसका घेवपाची शक्यताय आसा.

नवे  मुखेलमंत्री आनी ताच्या मंत्रिमंडळाचो सोपूतविधी सुवाळो आयतारा जावपाची शक्यताय आसा.

हालींच जाल्ले  विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपान 60 वांगड्याच्या सभाघरांत 46 सुवाती मेळोवन व्हड जैत मेळयलां.

STORY

लेफ्टनंट जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांची  फुडले  लश्करी मुखेली  Chief of the Army Staff म्हणून नेमणूक जाल्या. ते  ह्या म्हयन्याचे 30 तारखे सावन पदभार सांबाळटले . सध्याचे लश्करी मुखेली जनरल मनोज सी पांडे हांचो कार्यकाळ 30 जून दिसा पुराय जाता . .

१ जुलय १९६४ दिसा जल्मिल्ले  लेफ्टनंट जनरल उपेंद्र द्विवेदी हाची  १५ डिसेंबर १९८४ दिसा भारतीय सैन्याच्या  (जम्मू आनी काश्मीर रायफल्स) नेमणूक जाली.सुमार ४० वर्सांच्या लांब आनी विशिश्ट सेवेच्या काळांत तांणी वेगवेगळ्या पदांचेर काम केलां. लेफ्टनंट जनरल पदाचेर तांनी  2022 ते 2024 मजगती महासंचालक पदाधिकारी आनी जनरल ऑफिसर कमांडिंग इन चीफ (मुखेल कार्यालय उत्तर कमांड) ही  म्हत्वाची पदा सांबाळ्यात .

सैनीक शाळा, रीवा, नॅशनल डिफेन्स कॉलेज आनी अमेरिकन आर्मी वॉर कॉलेजीत शिक्षण घेतिल्ले  लेफ्टनंट जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी संरक्षण आनी वेवस्थापन अभ्यासांत एम फिल तशेंच  रणनितीक  अभ्यास आनी लश्करी विज्ञानांत दोन मास्टर्स  पदवी मेळयल्या. तांका परम विशिष्ठ सेवा पदक, अति विशिष्ठ सेवा पदक आनी तीन जीओसी-इन-सी प्रशंसा कार्डां मेळ्ळांत.

जम्मू काश्मीरच्या कठुआ जिल्यात सुरक्षा दळा बरोबर चालू आशिल्ल्या फारपेटात एका आतंकवाद्याक मरण आयले. पोलिसांनी दिलेले म्हायतीप्रमाणं कठुआ जिल्यातल्या सेडा सोहाल गावांत लिपून राविल्ले आतंकवादी आनी सुरक्षादळा मजगती हो फारपेट चालू आसा. थळाव्या लोककडल्यान म्हायती मेळ्ळ्या उपरांत सुरक्षा दळांनी  ह्या वाठारक घेराव घातले उपरांत हो फारपेट

सुरु जालो, अशी म्हायती सुरक्षा दलाच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या. ह्या वाठारांत दोन आतंकवादी अजून लिपोन राविल्ल्याचो अदमास आसा अशें सुरक्षा दलाच्या अधिकारयांनी मुखार सांगळले.  एक थळावो रहिवासी ह्या फारपेटत जखमी जाला.

STORY

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या चार दिसां खातीर हिमाचल प्रदेश, जम्मू विभाग, उत्तराखंड, मध्य प्रदेश, हरियाणा आनी दिल्ली सयत भारताच्या उत्तर पट्टेचेर उश्णताय ल्हारां ते खर उश्णताय ल्हारांखातिरचो  orange alert जारी केला . तशेंच फुडले तीन दोन चार दीस  अस्तंत बंगाल, बिहार, झारखंड आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी खर उश्णताय ल्हारांचो प्रभाव आसपाची खूब शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला .

फुडल्या एका दिसांत नैऋत्य मान्सून खातीर तेलंगणा आनी छत्तीसगडाच्या कांय वाठारांनी आनीक फुडें वचपाक परिस्थिती अनुकूल आसा अशे हवामान खात्यान सांगला . ईशान्य भारत आनी अस्तंत बंगालात फुडल्या सात दिसांनी गडगड आनी वीजेसयत  हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडले पांच दिसांत बिहार, झारखंड आनी ओडिशा हांगाय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या पांच दिसांत मध्य प्रदेश, विदर्भ, छत्तीसगड आनी दक्षिण भारतांतल्या चडशा वाठारांनी गडगड, वीज आनी वादळी वारें सयत  हलको ते मध्यम पावस पडटलो अशी म्हायती हवामान भारतीय हवामान खात्यानं दिल्या .

STORY

क्रिकेटांत, ICC दादल्यांच्या टी-20 संवसारीक करंड सर्तींत आयज सांजवेळा न्यूयॉर्कांतल्या नासाऊ काउंटी आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानावर भारत आड अमेरिका हो   खेळ जातलो.  दोनूय पंगड फाटल्या दोन खेळात अपराजित आसात. भारतीय पंगडान  पाकिस्तान आनी आयर्लंड आड जैत जोडला जाल्यार

अमेरिकेन कॅनडा आनी पाकिस्तानाक  हारायला. दोनूय पंगडांचे दोन खेळातल्यान ४ गुण आसात मात निव्वळ धांवड्यांचो दर चड बरो आशिल्ल्यान भारत  गुण तक्त्यार  अ  गटात  पयले सुवातेर  आसा  जाल्यार अमेरिकेचो दुसरो क्रमांक लागता.

आयज आनीक दोन खेळ जावपाचे आसा. अँटिगुआच्याच्या  सर व्हिव्हियन रिचर्ड्स मैदानार  ऑस्ट्रेलिया आड नामिबिया, जाल्यार फ्लोरिडाच्या सेंट्रल ब्रॉवर्ड रिजनल पार्क मैदानावर  श्रीलंका आड नेपाळ  हे खेळ जातालें .

ऑस्ट्रेलियन ओपन बॅडमिंटन बीडब्ल्यूएफ सुपर 500 सर्तींत अनुपमा उपाध्याय हिणें बायलांच्या एकोड्या गटांत  सर्तीच्या पयले  फेरयेंत मलेशियाची वॉंग लिंग चिंग हिका हारायली . तिणें  21-14, 23-21 अशा सरळ सेटांनी जैत जोडले.

हेर एकोड्या गटाच्या खेळांत आकर्षी काश्यप आड युक्रेनची पोलिना बुहरोवा, सामिया इमाद फारूकी आड  चीनी ताइपेची पाई यू-पो हांचे मजगती खेळ जातलो जाल्यार पयल्या  फेरयेंत केयुरा मोपाटी आनी मालविका बांसोद ह्या दोनूय भारतीय खेंगड्या मजगती खेळ जातालो.

दादल्यांच्या एकोड्या गटांत  भारताचो  एच.एस. प्रणॉय ब्राझीलच्या इगोर कोएल्हो आड आपली मोहीम  सुरु करतालो.  दुसरे मॅचींत समीर वर्मा पयले फेरयेंत ऑस्ट्रेलियेचो रिकी तांगा हांचे आड  खेळटलो, जाल्यार रवी  चीनी ताइपेचो लिन चुन-यी हांचे आड खेळटलो.  मिथुन मंजुनाथ, किरण जिओगे, एस संकर मुथुसामी सुब्रमण्यम आनी रघु मारिस्वामी हे पयल्या फेरयेंत दादल्यांच्या एकोड्या गटात हे  सर्तींत वांटो घेवपी हेर भारतीय आसात.